# राजभवनार सशस्त्र सैन्य दळ ध्वज दीस मनयलो

ता. 7 डिसेंबर 2017
16 मार्गशीष 1939

सैनिक कल्याण खात्यान आयज राजभवनार राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा, मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, संरक्षण दळांचे अधिकारी, आदले सैनिक आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत सशस्त्र सैन्य दळ ध्वज दीस मनयलो.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपाल डॉ. मृदुला सिन्हा हांणी सांगलें, सैन्य दळां आमच्या देशाची राखण करतात आनी ते खातीर आमी तांचे उपकार मानपाक जाय. आमची सुरक्षा दळां देशाच्या शिमेचेर राखण करतात म्हणूनच आमी मुक्तपणान जगतात. सैनिक आनी तांच्या कुटुंबांच्या कल्याणाखातीर आमी नागरीकांनी मदत करप हे आमचे कर्तव्य जावन आसा. आमी तांचे सदाच उपकारी रावपाक जाय, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी सांगलें, सैनिक दळां आनी तांच्या त्यागाचो उगडास करपाचो हो दीस. सैन्य दळांच्या मदतीखातीर प्रत्येक वर्सा लोकांकडल्यान निधी एकटाय करतात आनी लोकांनी हे बाबतीत संवेदनशील आसपाक जाय. सुरक्षा दळांचे जवांन आनी तांच्या कुटुंबांच्या समस्यांची आपल्याक जाणीव आसा. तांच्या कल्याणाखातीर एकटाय जावपी निधीचो योग्य वापर जावपाक जाय. निवृत्ती उपरांत तांचे योग्य तरेन पुर्नवसन जावपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

फाटल्या वर्साच्या सैन्य दळ ध्वज दीसानिमतान चड निधी एकटाय केल्लेखातीर ह्या वेळार शिक्षण संचालनालय, बायला आनी सुरगीं उदरगत संचालनालय आनी कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्याक पूरस्कार भेटयले.

मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांचेय ह्यावेळार उलवप जाले. मेजर वेणूगोपाल नायर (निवृत्त) हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन आनी निमणे उपकार मानले.